आकाशवाणी पणजेच्या

प्रादेशिक खबरो

Date : 11/03/2026 7:20 PM

खबरो.

- मुखेलमंत्र्या हस्तुकीं फोंडा हांगा नव्या नागरी पुरवण कार्यालयाचे उक्तावण
- गोंयचे नाव घालुन ऑनलायन पध्दतीतल्यान लोकांक पयशें घेवन टोपी घालपाचे प्रकार लेगीत घडटात अशे गोंय पुलिशेच्य नदरेक आयला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.
- राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाच्या प्रभावी अंमलबजावणेखातीर पालक- शिक्षकांनी ह्या धोरणांची मूळ तत्वां समजून घेवंची अशें आवाहन गोवा SCERT च्यो संचालक मेघना शेटगांवकर हांणी केलां.
- फुडले १५ दिस पावपा इतको गॅस सिलिंडराचो साठो राज्यात आसा अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सभाघराक दिल्या.
- फोंडेच्या विभागीय कृशी खात्याच्या नव्या कार्यालयाचें आनी इमारतीचें आयज मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी उक्तावण केलें.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं आयज फोणेच्या कृशी बाजार संकुलात नवीन फोणे तालुका नागरी पुरवण कार्यालयाचे उक्तावण जालें. तशेंच मुख्यमंत्र्यान ह्या वेळार प्रधानमंत्री गरीब कल्याण अन्न येवजणे खाला सवाय धान्य दुकानदारांक 3.17 कोटी रूपया कमिशन वितरीत केले.

ह्या वेळार उलयतना मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सवाय धान्य दुकानदारांक सरकाराकडल्यान सतत सहकार्य करपाचे आनी फुडारांत तांचे कमिशन वाडोवपाचे उतर दिले.

या कार्यावाळीक फोंडा नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष विरेंद्र ढवळीकर, आदले खासदार नरेंद्र सावईकर, नागरी पुरवण खात्याचे सचीव, नागरी पुरवण संचालक, जिल्हा पंचायत सदस्य प्रीतेश गावकर, सवाय धान्य दुकानदार आनी नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याचे हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

गोंयांत शिंदळकी वेवसाय ओपरेट जायना, गोंयचे नाव घालुन ऑनलायन पध्दतीतल्यान लोकांक पयशें घेवन टोपी घालपाचे प्रकार लेगीत घडटात अशे गोंय पुलिशेच्य नदरेक आयला अशी म्हायती मुखेलमंत्री तशेचं गृह मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.

गोंयातं मनीस तस्करीचे बेकायदेशीर वेपार चलतात असो आरोप विरोधी पक्षाचे फुडारी युरी आलेमाव, विरेश बोरकार, क्रुझ सिल्वा, एल्टन डीकोस्टा, विजय सरदेसाय हांणी लक्षवेधी सुचनेवेळार केल्लो. ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान अशा सगल्या प्रकाराची तपासणी करुन कारवाय करता अशे आस्वासन दिला.आमदार मायकल लोबो हांणी हाका लागून नांवान गोंयच्या पर्यटनाचेर दाग लागता अशे म्हणला. तशेचं आमदार निलेश काब्राल हांणी दर १५ दिसांनी अशा घडणुकीविंशीचो नियाळ गृह खात्यान घेवचो अशी मागणी केल्या.

शिक्षण संचालनालयान २०२६ - २७ शिक्षणिक वर्सा संबंदान कांय नवे निर्देश आयज जारी केल्यात. नव्या निर्देशा प्रमाण ५ वी ते ९वी मेरेनच्या वर्गांतल्या विद्यार्थ्यांची समाही परीक्षा सोपले उपरांत , १३ मार्च ते ३० मार्च मेरेन सुटी जाहिर केल्या. ३१ मार्चाक ६ वी ते ९ वी आनी ११ वेचो अंतीम निकाल जाहीर करून ह्या वर्गां खातीर १ एप्रिल सावन नव्या शिक्षणीक वर्साक सुरू करपा संबंदान लेगीत आयज उजवाडायल्ल्या पत्रकात स्पष्ट निर्देश दिल्यात. १ली ते ४ थी मेरेनच्या वर्गाच्या विद्यार्थ्यांच्यो परीक्षा ह्या म्हयन्याच्या निमणे मेरेन घेवन तांचो अंतीम निकाल ३० एप्रिल २०२६ मेरेन जाहीर करचो अशेंय ह्या परीपत्रकांत म्हळां.

*ह्यो खबरो तुमी आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागव्वर्यी आयकतात.*

राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाच्या प्रभावी अंमलबजावणेखातीर पालक- शिक्षकांनी ह्या धोरणांची मूळ तत्वां समजून घेवंची अशें आवाहन गोवा SCERT च्यो संचालक मेघना शेटगांवकर हांणी केलां. त्यो आयज फोण्या राजीव गांधी कला मंदीर सभाघरात फोणे तालुक्यातल्या पालक- शिक्षक आनी वेवस्थापन प्रतिनिधींकडेन उलयताल्यो. नव्या शिक्षणीक धोरणांत शिकपाची शिकोवपाची आनी परीक्षेची पद्धत बदलल्या ती पालकांनी समजून घेवंची अशें तांणी आवाहन केले.

फुडलो १५ दिस पावपा इतको गॅस सिलिंडराचो साठो राज्यात आसा अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सभाघराक दिल्या. आपणे हे विंशी केंद्रिय पेत्रोलियम मंत्रालयाकडे उलवप केला.

आखाती देशात चलिल्या गेऱ्हाच्या फांटभुयेंर एल.पी.जी पुरवण बंद जातली अशी भिरांत सध्याक पातळळ्या हे फांटभुयेंर केंद्र सरकारान तीन सदस्यिय समिती स्थापन केला. जाल्यार केंद्रिय पेट्रोलियम मंत्रालयान प्रत्येक राज्यात एल. पी. जी गॅस सिलिंडराचो कितलो साठो आसा ताचो आहवाल मागयला. हे विंशी आयज गोंय सरकार गोंयच्या वेवसायिक तशेंच घरगुती एल. पी. जी गॅस सिलिंडराचो साठो, तशेंच कितल्या प्रमाणात ही पुरवण दर म्हयन्याक लागता ताची म्हायती केंद्रिय समितीक धाडटले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

वेवसायिक सिलिंडर पुरवण बंद जायत जाल्यार गोंयातली रेस्टोरंन्टा , हॉटेल वेवसायाचेंर परीणाम जातलो. ती बंद दवरची पडटली अशी भिरातं काल कळंगुटचे आमदार मायकल लोबो हांणी व्यक्त केलली. जाल्यार काती देशात चलिल्या गेऱ्हाच्या फांटभुयेंर आस्ट्रीया देश सध्य पर्याय जांवक शकता अशे मत तांणी व्यक्त केल्ले.

## Civil supplies and consumer affairs (Durgaprasad) फोंडाच्या ग्रॅण्ड सेलिब्रेशन हॉलांत मुख्यमंत्र्याची सवाय धान्य विकपी येवजणेचीय सुरवात ह्या वेळार मुख्यमंत्र्यान केली.

ग्रँड सेलिब्रेशन हॉल, आग्रि बाजार कॉम्प्लेक्स, हांगा जाल्ल्या कार्यावळींत आमदार गोविंद गावडे, विभागाचे संचालक जयंत तारी, सचीव आयएएस अधिकारी संजीव गडकर, प्रवासी भारतीय आयुक्त नरेंद्र सावईकार, नगराध्यक्ष वीरेंद्र ढवलीकार, नगरसेवक रितेश नायक, कुट्टी पंचायतीचे सरपंच नावेद तहसीलदार, जिल्लो पंचायत वांगडी प्रितेश गांवकार आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी दिवो पेटोवन कार्यावळीचें उक्तावण केलें. ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी गोंयच्या वेगवेगळ्या वाठारांनी काम करपी सवाय अन्न धान्य विक्रेते दुकानदार गोयच्या लोकांक बऱ्यो सुविधा दितात, जाचे खातीर तांचे मानधन वाडोवपा खातीर मुख्यमंत्री सवाय अन्न विक्रेते येवजण सुरू करतले अशें तांणी सांगलें. आपले सरकार लोकांची सेवा करपाक सदांच तयार आसा आनी सरकाराच्या वेगवेगळ्या येवजण्यांचो फायदो करून घेवपाचें आवाहन तांणी लोकांक केलें.

## Ponda Zonal Agriculture office (Durgaprasad)

फोंडेच्या विभागीय कृशी खात्याच्या नव्या कार्यालयाचें आनी इमारतीचें आयज मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी उक्तावण केलें. ह्या वेळार जाल्या उक्तावन सुवाळ्यात आमदार गोविंद गावडे, फोंडा नगरपालिकेचो नगराध्यक्ष विरेंद्र ढवलीकार, नगरसेवक रितेश नायक, कृशी खात्याचे अधिकारी ओंकार देसाय ,संदीप फळ देसाई आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

फित कापून आनी बुन्यादी फातराचें अनावरण करून इमारतीचें उक्तावण जालें. ह्या संदर्भार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी फोंडांतल्या विभागीय कृशी खात्याची नवी इमारत लोका खातीर, शेतकारांक आनी बागायतदारांक सेवा दिवपाक तयार आसा अशें सांगून हांगाच्या जनतेन ह्या खात्याच्या वेगवेगळ्या येवजण्यांचो लाव घेवचो अशें आवाहन केलें

### River pollution (Rashmi)

राज्यातलो ११ न्हंयो प्रदुशित जाला. त्यो प्रदुशित जावपाक घाणयारे उदक सोडप, तशेंच उद्देगिक वसणुकेतले हानीकारक रसायना सोडप, कोयर उडवप, तशेंच हेर घाणयारे उदक उदकास्त्रोतानी सोडील्या कारणान आयज उदकाची परीस्थिती बाबत जाला अशे हळदोणचे आमदार कार्लुस फरेरा हांणी सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले.

खबरो.

- मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं फोंडा हांगा नवीन नागरी पुरवण कार्यालयाचे उक्तावण
- गोंयचे नाव घालुन ऑनलायन पध्दतीतल्यान लोकांक पयशें घेवन टोपी घालपाचे प्रकार लेगीत घडटात अशे गोंय पुलिशेच्य नदरेक आयला अशी म्हायती मुखेलमंत्री तशेचं गृह मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या
- राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाच्या प्रभावी अंमलबजावणेखातीर पालक- शिक्षकांनी ह्या धोरणांची मूळ तत्वां समजून घेवंची अशें आवाहन गोवा SCERT च्यो संचालक मेघना शेटगांवकर हांणी केलां.
- फुडलो १५ दिस पावपा इतको गॅस सिलिंडराचो साठो राज्यात आसा अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सभाघराक दिल्या.
- फोंडेच्या विभागीय कृशी खात्याच्या नव्या कार्यालयाचें आनी इमारतीचें आयज मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी उक्तावण केलें.